Panaji national news

3July 2026,6.30pm

(IWT) ५५

इस्लामाबादकडल्यान सीमापार दहशतवादाक शेगीत पाठबळ दिले वता ह्या फाटभुयेर, सिंधू जल करार (IWT) स्थगितच रावतलो, अशे सरकरान आयचं परतून एकदा स्पष्ट केला. आयज सांजवेळा नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना विदेश वेवार मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जायसवाल हांणी सिंधू उदका कबलाती विशीं भारताची भुमिका सारकी आसा अशें सांगलें. पाकिस्तानान शिमेभायर आतंकवादाक दिल्लो आदार काद्चो पडटलो अशें तांणी सांगलें.

100 सिंग चौहान

केंद्रीय शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आंध्र प्रदेशांतल्या तोतापुरी आंबो पिकोवप्यांक कितले आव्हान आसात हाची तपासणी करपा खातीर भारतीय शेतकी संशोधन मंडळा खाला उच्च पांवड्यावेली तज्ञ समिती घडोवपाचे निर्देश दिल्यात. केंद्रीय मंत्रीन हालींच आंध्र प्रदेशाक केल्ले भेटी उपरांत हो निर्णय घेतला, ह्या वेळार शेतकारांनी मंत्रीमंडळाक कळयलें की फाटल्या म्हयन्यांत प्रक्रिया उद्देगा खातीर व्हड प्रमाणांत लागवड करपी तोतापुरी आंब्याच्या जातीचे दर खूब उणे जाल्यातआंब्याच्या पिकोवप्यांक टिकावू आदार दिवपा खातीर, मोल साखळी घटमूट करपा खातीर आनी ह्या क्षेत्रांत मोल वाडोवप, निर्यात, गुंतवणूक आनी रोजगार हांचे खातीर नवे संदी निर्माण करपा खातीर समितीच्या शिफारशींच्या आदाराचेर योग्य उपाय करतले अशें तांणी सांगलें.

बिर्ला 80

अस्तंत बंगाल विधानसभेच्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या वांगड्या खातीर दोन दिसांच्या मार्गदर्शन कार्यावळीचें उक्तावण लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी आयज कोलकाता हांगाच्या न्यू टाउन कन्वेंशन सेंटरांत केलां. उक्तावण सुवाळ्या पयलीं ताका गार्ड ऑफ ऑनर दिल्लो..अस्तंत बंगालचे मुखेलमंत्री सुवेन्दु अधिकारी, केंद्रीय संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू, राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश, अस्तंत बंगाल विधानसभेंतले विरोधी पक्ष फुडारी रीताब्रत बॅनर्जी, अस्तंत बंगाल विधानसभेचे अध्यक्ष रथिंद्र बोस, हेर राज्यांच्या विधानसभेचे अध्यक्ष आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयताना श्री बिर्ला हाणी म्हटला कि

४० (BARC)

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान ब्रॉडकास्ट ऑडियन्स रिसर्च कौन्सिल (BARC) लाक , मंत्रालयान सुरू केल्या नियामक चौकट आशिल्ल्या टेलिव्हिजन रेटिंग धोरणांखाला, परवान्याचे नूतनीकरण जाय मेरेन बातम्या आणि बातम्यांव्यतिरिक्त हेर दोनुय प्रकारच्या कार्यक्रमांची टेलिव्हिजन रेटिंग प्रकाशित करप थांबवचे अश्ये निर्देश दिल्यात .

५५ (UIDAI)

भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरणान (UIDAI) थेट आधार ॲपावरवी आधार कारडार मोफत ईमेल अपडेट करपाची सुविधा सुरू केल्या.. ही सुविधा १ जुलै सावन स महिन्यांच्या कालावधी खातीर लागू आसा . इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान कळयला की, आधार ॲपाच्येर ही नवीन सेवा उपलब्ध झाल्याच्या दोन दिसांत अडीच लाखां परस अधिक लोकांनी त्यांचे ईमेल पत्ते अद्ययावत केल्यात .

50 संरक्षण खरेदी परिषदेन

संरक्षण खरेदी परिषदेन (डीएसी) संरक्षण दळाची लढाऊ तयारी वाडोवपाखातीर ५२ हजार कोटी रुपयांच्या भांडवली खरेदी प्रस्तावांक मंजुरी दिल्या..मानवरहित हवाई वाहनांआड - इलेक्ट्रॉनिक युद्धप्रणाली 'आकाश तरंग', वाहतुकीक सोपो रणगाडा - विरोधी क्षेपणास्त्र प्रणाली, मध्यम पल्ल्याची पृष्ठ-ते-हवाय क्षेपणास्त्र प्रणाली, आणि लष्कराखातीर अति-लघु पल्ल्याची हवाय संरक्षण प्रणाली हानच्या खरेदीखातीर ही मंजुरी दिल्या.

70 खेळ

भारतीय क्रिकेट नियंत्रण मंडळान श्रीलंके आड भारताची दोन मॅचींची कसोटी मालिका फुडल्या म्हयन्याच्या 15 ते 27 मेरेन खेळपाची वेळापत्रक जाहीर केला .सुरवातीची कसोटी फुडल्या म्हयन्याच्या 15 तारखे सावन गॅले आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत जातली जाल्यार दुसरी कसोटी फुडल्या म्हयन्याच्या 23 तारखे सावन कोलंबोच्या सिंहली खेळां क्लबांत जातली. ही मालिका आय सी सी संवसारीक कसोटी चॅम्पियनशिप 2025-27 चो एक भाग आसा . शुबमन गिल हाच्या फुडारपणा खाला आशिल्लो भारतीय दादल्यांचो पंगड सध्या संवसारीक कसोटी चॅम्पियनशिप क्रमवारींत पांचवे सुवातेर आसा,

हवामान 95

भारत हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन गुजरात, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा आनी अस्तंत मध्य प्रदेश ह्या वाठारानी व्हड पावस पडपाचो आशील्ल्यान रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भाचेर जोगला वांगडा गडगड येवपाचो अदमास काडला.आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फाल्यां मेरेन उत्तर प्रदेश, बिहार, आंध्र प्रदेश, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, कर्नाटक, जम्मू-

काश्मीर, लद्दाख, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगणा आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा . तशेंच छत्तीसगढ, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, केरळ, माहे, उत्तराखंड आनी विदर्भा हांगाय ह्या दिसा खातीर अशीच परिस्थिती आसतली.